Akashvani Panaji national 22 april 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अमेरिकेचे उपरश्त्रध्यक्श जे डी व्हॅन्स हांचे कडेन नवी दिल्लींत उलोवणी केली आनी दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय सहकार्याच्या वेगवेगळ्या मळार जावपी प्रगतीचो नियाळ घेतलो. भारत-अमेरिके खातीर वाटाघाटींतल्या म्हत्वाची प्रगती खतिर तानि उलो मर्लो. द्विपक्षीय वेपार करारांत दोनूय देशांतल्या लोकांच्या कल्याणाचेर ते उलैले. तशेंच उर्जा, संरक्षण, रणनिती तंत्रगिन्यान आनी हेर मळार सहकार्य वाडोवपाचे दिकेन चालू आशिल्ल्या यत्नांची नोंद तांणी केल्या. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी परस्पर हिताच्या वेगवेगळ्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर मतांचो आदान-प्रदान केले. अमेरिकेचे उपराश्त्रध्यक्श काल भारताक चार दिसांच्या भेतेर नवी दिल्लीत पावले. राष्ट्रीय राजधानींतल्या विमानतळार म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी ताका येवकार दिलो.

---

---

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयच्यान साउदी अरेबियाचा दोन दिसांच्या अधिकृत भेटेर वच्पचे आसत.युवराज आनी प्रधानमंत्री मोहम्मद बिन सलमान हांच्या आमंत्रणा प्रमाण तेह्य भेतेर वत्ले. ही भेट भारत आनी साउदी अरेबिया हांचे मदीं वाडत आशिल्ली रणनिती भागीदारीचेर भर दिता आअनि वेपार, उर्जा, संरक्षण आनी लोकां मदल्या संबंदांक घटमूट कर्ता. साउदी अरेबिया आपल्या महत्वाकांक्षी 2030 uddishthak चल्ना दिता. हे uddishth राज्याची अर्थवेवस्था विविधताय हाडपाक, नागरिकांक सशक्त करपाक आनी साउदी अरेबियाक संवसारीक फुडारी म्हूण स्थापन करपाक 2016 वर्सा सुरू केल्ली एक व्यापक राष्ट्रीय रणनिती आसा.

---

पोप फ्रांसिस हे काल संवसाराक अंतरिल्ल्यान भारत सरकारान राज्य पांवड्यार तीन दिसांचो दुखवटो जाहीर केला. दोन दिसांचो दुखवटो आयज आनी फाल्यां, जाल्यार एक दिसाचो दुखवटो तांच्या निमण्या विधी वेळार पाळटले. दुखवट्याच्या

दिसांनी देशभर राष्ट्रीय तिरंगो अर्धार हुबयतले. तशेंच कसलीच सरकारी मनरिजवणेची कार्यावळ दुखवट्याच्या दिसांनी आसची ना.

---

हवामान बदल कमी करपाक आनी अर्थीक वाड करपाक आयज नवी दिल्लींतल्या NASC संकुलांत केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह 'सेव अर्थ कॉन्क्लेवचे उक्तावण करतले. फीनिक्स फावंडेशन संस्था, लातूर आनी इंडियन चेंबर ऑफ फूड अँड एग्रीकल्चर हांणी आयोजीत केल्ल्या ह्या परिशदेचें उक्तावण मंत्रि शाह करतले अशें महाराष्ट्रांतल्या पर्यावरण आनी सास्टेनेबल डेव्हलपमेंट मुखेल्मनत्री कार्यदळाचे अध्यक्ष पाशा पटेल हांणी सांगलें.

---

'एक राष्ट्र, एक वेंचणूक' ह्या विशयाचेर संयुक्त संसदीय समितीची बसका आयज जातली. पयल्या अधिवेशनांत सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश न्यायमूर्ती हेमंत गुप्ता हांचे कडेन संवाद सादतले. ताचे उपरांत जम्मू-काश्मीर उच्च न्यायालयाचे आदले मुखेल न्यायाधीश न्यायमूर्ती एसएन झा हांचे कडेन अधिवेशन जातलें. फुडल्या अधिवेशनांत सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश आनी भारताच्या 21व्या कायदो आयोगाचे अध्यक्ष न्यायमूर्ती बी.एस.चौहान हांचो आस्पाव आसतलो.निमाणें अधिवेशन राज्यसभा वांगडी आनी वरिश्ठ वकील अभिषेक मनु सिंघवी हांचे वांगडा आसतलें.

---

तेलंगणाचे मुखेलमंत्री ए रेवंथ रेड्डी हांणी राज्यांत गुंतवणुकी खातीर उलो मारला. राज्यांतल्या विंगड विंगड मळांनी गुंतवणूक करची अशें तांणी म्हणलां. वर्तुळ अर्थवेस्था, शारी साधनसुविधा, पर्यावरण आनी हेर मळांचेर गुंतवणूक करची अशें तांणी म्हणलां. ओसाका जपानांतल्य 'वर्ल्ड एक्सपोंत' ते काल उलयताले.
मुखेलमंत्री ए रेवंथ रेड्डी तेलंगणा राज्यजिंग प्रतिनिधी मंडळा वांगडा जपानांत गेल्ले. थंय तांणी कितल्याशाच कंपन्यांच्या प्रतिनिधीं कडेन गुंतवणुकी विशीं चर्चा केली. रिंग रोड, रेडियल रोड, हैयदराबाद मॅट्रो रेल्वेचो विस्तार, फ्युचर सिटी, पर्यटन, शेती, वखदां, सौर उर्जा, आनी सॉफ्टवॅरांत गुंतवणूक करपाक तांणी उलो मारलो.हे भागीधारींतल्यान लोकांचें सशक्तीकरण जावचें आनी ताचो लाभसगळ्यांक जावचो असो हेत आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें. जपानच्या कंपन्यांनी हैयदराबादेंत येवचे आनी गुंतवणूक करची अशें तांणी म्हणलें.

भारत नव्या अमेरिकेच्या प्रशासना कडेन सक्रीयपणान वावुरता आनी अंदूं पावस मेरेन  द्विपक्षीय वेपार कराराचो पयलो पंव्दो “सकारात्मक” रितीन सोंपोवपाची आस आस अशें  केंद्रिय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी म्हंले.ह्या वर्साचे सुरवेक अमेरिकेचे रश्त्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी द्विपक्षीय वेपार करारा खातीर  उलोवणी सुरू करपाचें मान्य केला. हि उलोव्नि नव्या ध्येयाचो एक भाग आसा. 2030 मेरेन दोनूय देशां मदलो वेपार दुपेटी परस चड करून 500 अब्ज अमेरिकन डॉलर करपाचो हेतू आसा.तशेंच मंत्रि सीतारामन ह्यो अमेरिकेच्या खजिन्या सचीव स्कॉट बेसेंट हांकां मेळपाची आसा आनी अमेरिकेच्या वेपार प्रतिनिधीच्या कार्यालयांत अधिकाऱ्यां कडेन उलोवपाची शक्यताय आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या  फुडारपणाक’ आनी चालू आशिल्ल्या सरकारान दिल्ले स्थिरतायेक लागून भारत सगळ्यांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था जाल्या अशें तनि सांगलें. अमेरिकेंतल्या पांच दिसांच्या भोंवडेर त्यो स्टॅनफर्ड विद्यापिठांत मुखेल भाशण दिवपाच्यो आसत आसा आनी सॅन फ्रांसिस्कोंतल्या सीईओ कडेन गुंतवणूक आनी तंत्रीक उदरगती विशीं चर्चा करपाची आसा. तशेंच ह्या भेटी वर्वि भारताची जागतीक सांस्कृतीक उपस्थिती वाडोवपाचोय आस्पाव जातलो.वॉशिंग्टन डी.सी.ंत सीतारामन आयएमएफ आनी जी-20 अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेच्या गव्हर्नरांच्या बसकांक हाजीर रावतले. अमेरिकेची भोंवडी पुराय केल्या उपरांत सीतारामन 26 ते 30 एप्रील मेरेन पेरूक भोंवडी करतली.

---

आयज धर्तरेचो दीस. पर्यावरण संरक्षणाक तेंको दाखोवपा खातीर हो दीस संवसारभर मनयतात. १९६९ वर्सा युनेस्कोच्या शिखर सभेंत हो दीस सुचयल्या उपरांत १९७० वर्सा पयलो पृथ्वी दीस मनयलो.ह्या वर्साचो विशय "आमची शक्त, आमचो ग्रह" असो आसा.पर्यावरणाच्या प्रस्नां विशीं जागृताय करप आनी आमच्या ग्रहाची राखण करपा खातीर प्रेरणा दिवपी कृती करपाचो ह्या दिसाचो हेत आसा. हवामान बदल, प्रदुशण, आनी टिकावूपण हांचे विशीं भोव्शिक शिक्षण दिता आनी तेच बरोबर नितळसाण आनी झाडां रोवप सारकिल्या समुदाय यत्नांक एकठांय हाडटा. हो दीस समुदायाच्या सहभागाक पोसवण दिता आनी पर्यावरण-अनुकूल पद्दतींक चालना दिता, व्यक्तींक आनी वेवसायांक शश्वत्पन आपणावंक प्रोत्साहन

दिता. अंदूंच्या विशयांत व्यक्तींक, गटांक आनी सरकारांक 2030 मेरेन नितळ उर्जेचें उत्पादन करपाक आवाहन केलां आनी नवीकरणीय उर्जे कडेन वचपाची खर गरज हाचेर भर दिला. हवामान बदलाक तोंड दिवपा खातीर जीवाश्म इंधनाचेर अवलंबन उणें करप आनी शश्वात, समतावादी आनी समावेशक उर्जा फुडारांत गुंतवणूक करप कितलें म्हत्वाचें हाचेर हे मोहिमेक भर दिला

---

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या 2 दिसांत राजस्थान, मध्य प्रदेश, हरियाणा, उत्तर प्रदेश, विदर्भा, ओडिशा आनी छत्तीसगढ हांगा उश्णतायेचि ल्हारां पतल्पचो अदमास उक्तय्ला. हवमन खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण बिहार, झारखंड, कोंकण, गोंय, मराठवाडा, गुजरात, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आनी रायलासीमा हांगा आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.तशेंच हवामान खात्याचा म्हन्न्या प्रुप्रमान अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालयात आयज सुवातेर पावस पडटलो असो अदमास हवमन खातयन उक्तय्ला. ओडिशा, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, आंध्र प्रदेश, यानम, रायलासीमा, आनी कर्नाटकांतल्या कांय वाठारांनी फुडल्या 2-3 दिसांत वीज आनी वादळ वारें येवपाची खूब शक्यताय आसा.

---

आयपीएलआंत काल जाळले 39 वे माचीत गुजरात टायटन्स कोलकाता नायट राइडर्स 39 धावदयाणी हारायले . गुजरात टायटन्स 3 बाद 198 धावडीइओ करून कोलताक जैत खतिर 199 धावड्यांची मोख दिल्ली पुन टक निर्धारित 20 ओवरिणी 8 विकेती वागडवं 159 धावडीओ करप शक्य जाले